**राष्ट्रपतीच्या भेटी वेळार रस्त्याकुशींक वाहनां पार्क करपाक मनाय**

ता. 3 सप्टेंबर 2021

भारताचे राष्ट्रपती श्री रामनाथ कोविंद ता. 5 ते 7 सप्टेंबर 2021 मेरेन गोंयच्या भेटीर येवपाचे आसात. त्या खातीर येरादारी पुलीस अधिक्षकांन लोकांक अतिमहनिय व्यक्तिच्या मार्गा कुशींक आपली वाहनां पार्क न करपाची सूचोवणी केल्या.

तशेंच अतिमहनिय व्यक्तिच्या वाहनांच्या ताफ्यांक सुरळीत मार्ग करून दिवपाखातीर योग्य वेळार आनी जाग्यार येरादारी थांबोवपात येतली तशेंच दुसऱ्या मार्गान वळोवपात येतली. लोकांनी वयल्या काळांत ह्या आदेशाक आनी येरादारी नेमांक पाळो दिवन सहकार्य करचे.

अतिमहनिय व्यक्तिच्या वाहनांचो ताफो येवपाच्या वेळार रस्त्यांचेर वाहनां पार्क केल्ली आसत जाल्यार ती ओडून कुशीक व्हरतले. तशेंच वाहनचालकांनी आपल्या प्रवासाचे नियोजन करचे आनी गरज पडल्यार पर्यायी मार्गाचो वापर करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/748

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji